WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY ★ विश्व कोंकणी केंद्र ग्रंथालय ★
541
Acc. No.

चांगपणाची सांत

पी. एन. शिवानन्द शणै

362
P-7Dev
SHE

पी. एन. शिवानन्द शेणैल्यो कविता

Basti Vaman Shenoy
... GARDENS
THUMBAY - 574 170
BANTWAL

With Best Compliments from
Basti Vaman Shenoy
Basti Prakashana
Basti Gardens
Thumbay, Buntwal

चांगपणाची सांत

362
P->Dev.
8HI

KONKANI CENTRE LIBRARY
Acc. No: 541

000362

केरळ कोंकणी अकादमी, कोची

CHANGPANACHI SANTH

(Konkani Poems)

P. N. Sivananda Shenoi
Pullat Kurinhikkattil
Kumaranellor Jn.
Kottayam-686016

Publishers :
Kerala Konkani Academy
"Gokul" Palluruthy Nada West
Cochin-682006

Ccpyright wlth Author

G,CMA N94

Printed at :
Jyoti Printers
Chathari, Tripunithura-682301

Price : Rs. 20/-

Cover Design :
Sarathchandra Shenoi

First Edition :
March 1994

ISBN-81-85367-24-8

With Best Compliments from
Basti Vaman Shenoy
Basti Prakashana
Basti Gardens
Thumbay, Buntwal

दोन उतरां–

केरळचे कवितेचे आस्वादकांक श्री. पी. एन. शिवानन्द शेणै अनवळखी न्हय. श्री. शणैलो पयलो कवितां झेलो "किरकिर" धा वर्सां पिरथम आमीच उजवाडायलोलो. तेन्ना आमी हांची वळख करून दिल्लेली, "एक नवोदित तरनाटो कवि" अशि. आतां ह्या धा वर्सांनी हांगेली कविता कशि फुलल्या, फान्दळेल्या आनी कितल्या वयल्या पावंड्याचेर पावल्या म्हळ्ळेल्याची जाणविकाय आस्वादकांक ह्या नव्या कवितासंग्रल्हांतल्यान जातली. तरीय कवि तरनाटोच आसा कवितेंत नवेपणय तशीच आसा!

"किरकिर" हाचे प्रस्तावनेंत प्रो. एन. एन. आनन्दन हाणी बरयलें—"सामान्य जनानी देखनातिल्लें देखचोच कवि-ताणी आयकनातिल्लें आयकुचो आनी तांकां कळनातिल्लें कळचो. मनीसस्वभावाचे, मनीससमाजाचे, सैमाचे, आनी पुराणांचेय बी, आगळे-वेगळे सूक्ष्मांशांचेर उजवाड झळकावन विचारवंत आस्वादकांखातीर नवे दृष्टिकोण निर्मिता श्री. शेणै.

चांगपणाचे हे सांतेंत आषाढांतलो पावस मेळता. काणी सांगचो कीरूय, सत्याचो कीरूय आसा. कित्या चड, सुक्कें सीत मेरेन मेळता! गोडसाणीच्यो, मिटसाणीच्यो, तिकसाणीच्यो ह्यो कविता आस्वादकांले हातांत सहृर्ष, साभिमान आमी समर्पण करतात.

—केरळ कोंकणी अकादमी

सांतेंत

आषाढांतलो पावस □
धूव □
माडयाचें स्वप्न □
दारवटो □
फरक □
सीता रडता कित्या □ अपुरबाय
भाग्य □ कीर सत्याचो
चरित्र □ वड्डो
स्वप्न □ निष्ठा
चांगपण □ कीर काणी सांगता
उपदेश □ सीतेलें स्वप्न
पूत □ हांव कुरवंता
□ सुक्कें सीत
□ एकलो असिल्लो
□ सीता
□ गोमन्तक-90

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 000362

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
541

आषाढांतलो पावस

आषाढांतलो पावस
आवसूवरी म्हूण
        सांगिल्लें कोणे ?
आषाढांतलो पावस
बायलेवरी म्हूण
        सांगिल्लें कोणे ?

आषाढांतलो पावस
पडून आसा
राती नातिल्लें
दीस नातिल्लें पडून आसा ।

दोळे भरून रडचे
हे बायलेलो
बामुण कोण ?

□

धूव

कुळण्यांत पेज ना
साबाव निशें—
पोटांत भूक ना—
रित्ते ताटर मनांत
एक धूव
रडून आसा—
ती कोणाली बायल जातली ?
तिका आठयतना
माका उजवो हात ना
उजो लागून गेल्लो.
गिळ्ळोलो कांटो
ताळ्याक खोंबून आसा.
आनी बीळांत
जीविताचें एक बाल
दृष्टींत आसा.
मळबार एक फातर
पाषाण जावन आसा.

☐

माडयाचें स्वप्न

माडयाचे आळयांत
उदाक भरून पडल्यां
तांतूं बोंडे पोवन पडल्याय
अर्धार गर्भ निसरून गेल्लेलें
माडयाचें स्वप्न—

फाय शियाळीं जावन
तान दूर करका जालेले बोंडे
नारल जावन
तेल दिवंका जालेले बोंडे—

पावसांतले उदकांत
पोवन पोवन पोवन
माडयाचें स्वप्न.

□

दारवटो

स्वर्गाक एक दारवटो—
खाल चोवंचाक.
खाल नरकांत पडलेले
        बाल्लाव मनिषांक
        भाजूचें चोवंचाक.
आमकां दिल्लेले पीडेचें
लेक सांगून
बरें मीट मीरें लावन
खतखतेवंचे तेलांत
भाजून सिजोवंचें चोवंचाक.

स्वर्गाक एकच एक दारवटो
खाल चोवंचाक.
माका मारलोलो गुरू—
माका मारनातिल्लो बापा—
अपुरबायेन, माका मेगेले वाटेन
सोडलेलो आवस—
माका वाडलेलें सीत
सगळें खेल्लेलें सूणें—
मेगेले मात्यार हागिल्लो कायळो—
तशि
एकेकल्यांक जावन
भाजून काडचें
चोवन हांसूक.

माका मन दिल्लेले
देवाकय भाजूचें चोवंचाक ?

□

फरक–1

शियाळें पिल्लेले चेरडाक
सूर पिल्लेलें मन—
सूर पिल्लेले आबोक
शियाळें पिल्लेलें मन—

फरक–2

नीद नातिल्ले रायाक
नीदेपिशें आशिल्ली
राणी—
भूक नातिल्ले रायाक
भूकेपिशें आशिल्ली
राणी—

फरक—3

खाल्लटाक
एक भट आशिल्लो.
देवापूजा करून
उपास पडून मेल्लो—

उंचटाक
एक भट आशिल्लो.
देवा फटोवन
दुड करून मेल्लो—

देव दोगालेंय मनांत आशिल्लो.
एकल्याक शेळोव जावन
एकल्याक हुनसाण जावन—

□

सीता रडता कित्या ?

सीता रडता कित्या ?
बापान तिका रामाक दिल्ली दिकून वे ?
रामान तिका रानांत सोडली दिकून वे ?
रानांतलें चितळ
धावनु गेल्लें दिकून वे ?
सीता रडता कित्या ?

□

भाग्य

सूर्याक उदेवंचाक
केळका मळबच जाय
सूर्याक अस्तेवंचाक
पणजरा मळबच जाय
दिस्सलेकडे पडचाक
भाग्य जाय.

□

चरित्र

एक रूक आशिल्लो
तो पडून गेल्लो
एक आज्जो आशिल्लो
तो चमकून गेल्लो
एक आज्जी आशिल्ली
ती तागेले मागल्यान गेल्ली
एक घर आशिल्लें
तें रित्तें जाल्लें
एक रान आशिल्लें
तें सुकून गेल्लें.

□

स्वप्न

आयलेलें बस सगट
राबोवनातिल्लें गेल्यार
हांव हांगाच बेसतलों—
माका जावन एक बस येतलें
हांव ताजेर चडून वतलों—
अशि
मेगेलें स्वप्न.

□

चांगपण

आपिळ खावंचाक
        लागी कांय नाका
उदाक पिवंचाक लागी
        खावंचाक कांय नाका
सूर पिवंचाक
        जिबेर लावंचाक
        मीरें जाय, मिटसाणी जाय
        सुंगट भाजिल्लें जाय.

चांगपणाक लागी कोण नाका.

□

उपदेश

उंदीरा तूं पेटेंत चड
दिवडा तूं गुळक्यांत पड
मासळे तूं बोल्यांत पड
दादल्या तूं वरडीक कर

□

पूत

भीमा वरी एक
पूत जावंका.
        खेळांतूय
        शाळेंतूय
        मुकार राबुचो पूत
        खावंचाक
        जेवंचाक
        मुकार आसुचो पूत
भीमा वरी एक पूत.

□

अपुरबाय

बामणाक बायल जावंका
बायलेक चेरडूं जावंका
चेरडाक बावलें जावंका
        बावल्याक
        पोट भरनु
        तिकसाणो
        मिटसाणा
        गोडसाणो
        दी रे मेगेले देवा—

□

कीर सत्याचो

हावें म्हळ्ळें :
        मनांत एक फूल करपून पडल्यां
मनांतलो कीर उलयना
कीराक पिश्शें लागलां
हावें सांगुचें तो परतून सांगना
हावें म्होणचें तो परतून म्हणीना—
मनांतलो पिश्याकीर
म्होणूच आसा—
तो सत्या–पिशाचो
सांगता फटो फक्त हांव.

□

वड्डी

एकेक उंडी सीताकय
आट उंडी वड्डी—
एकेक उंडी वड्डी दिवंचाक
रातदीस कष्टल्यारीय
अर्द उंडी वड्डी बाकी—

□

निष्ठा

फुल्लां हाडि, फुल्लां गांति, फुल्लांमाळेन तोरण बान्दि
मोगरें हाडि, शेंवतें हाडि, पत्माक्ष हाडि
सग वर्णाचेंय अबोलें हाडि
तांबडें हाडि, नीळ हाडि, हळदूवें हाडि, धवें हाडि
माळा गांती, तोरण बान्दि–
दिवलि हाडि, दिवलि धूय
दिवलेन्त तेल वाति घालि–

हांगा तोरण
हांगा पाचूवें तोरण
        तांबीडें तोरण
        हळदूवें तोरण
थांगा तोरण
        नीळ तोरण
        धवें तोरण
        तांबीडें तोरण
हांगा तोरण, थांगा तोरण
अंब्या पाना तोरण थांगा बान्दिरे
दिवटि हाडि लुगट वेडावनु तेल घालनु जळयाय
हांगा दिवटि थांगा दिवटि

राम यो रे, कृष्ण यो रे, परशुराम मुकार राब रे,
लक्ष्मणां तूं दिवटि धरी,
तेला कळसो अर्जुन धरी,
दिवलेंत कोण तेल घालता ?
तेल न्हय रे; तूप घाली–
दारूव हाडि
कोतन्यांत भरि
सांगूचे वेळार उजो लाय
अतां न्हय रे, अतां न्हय
सांगूचे वेळार उजो लाय–
पेंपरीं वाज रे
घोंल मार रे
दोनीय एकच ताळार वाज रे
पी पी वाजूचे चल्या मात्यार एक टुकळी दी रे–
करपूर घेवंचाक गेलोलो गोपाळु परतून पावलो रे ?
यो रे गोपाळा, बेगीं यो रे,
गोपरावयले दिवलेंत वाति लाय रे–
(तेल फारल्यार तेल मेळता
नारल फारल्यार नारल मेळता
फूल फारल्यार फूल मेळता
दुडु फारल्यार दुडु मेळता
फारता तशी मेळता राबता—)
तोरण बेगीं बान्दून यो रे,
दिवली सग लावनु यो रे,
दिवटि सग धरनु राब रे,
कोतनो सांगूचे वेळार मार रे—

अशि उत्साहान
गांवां सगट एकडे जाताय
अशि उत्साहान उत्सव करूक
अतां माका कसो उत्सव ?
हांव नेणताणा कितें हो उत्सव ? कित्याक उत्सव ?

देव निमगीता जनालागि—

कितें रे भटा, कितें रे बाळा,
तोरण बन्दताय, दिवलि लायताय,
दिवटि काडताय कोतनो मारताय
कित्याक रे भटा……?

"नेण व्हय देवा, स्वामी येताय
अतां……अतां……अतां पांवताय……"

तोंड करपून,
दोळे धांपून,
देव सांगता :
"पायसा पूजा दनपारां,
दनपारां पूजा मदराती,
मंगळार्ती फायचे फांत्यारी,
आनी खाण न्हाण
तांका दिसचे वेळांरी
हांव फूट उपाशी!!!

□

कीर काणी सांगता

कीरा तूं यो बैस गा
काणी पुरति सांग गा.
आयकूक कान दीवनु राबल्याय गा
कीरा तूं यो, पुरति काणी सांग गा.

न्हंयचे तीरार एक फातोर पडलोलो
पाषणा फातरेर पाय दवरनु
मोंचुवार चडून
आलतडि एताय
पलतडि वताय
एकलो गेलो, दोग जाणा गेले
तशि जाय ते महाजन अळत पेळतांत गेले.
फातरेन दिकलें एक स्वप्न
एक दीस एता-पायु एता
श्रीरामचन्द्र एंवचे दीस पांवता पायु
फातरेर पाय दवरनु मोंचवार चडता
तवळी ही फातरी 'अहल्या' जाता.

यो कीरा यो काणी पुरति सांग गा.
आयकुक मन दीवनु राबल्याय गा
कीर तूं यो काणी पुरति सांग गा.
यो कीरा यो, काणी पुरति सांग गा.

घोर रानांत एक रूका खांदार
बैसलो गोपालकु
पिरलूक वाजता राग म्हणता
एक राग जालो
दोन राग जाले
तशि जाय ते राग ताणे म्होण सोडले.
गोपालकान दिकलें एक स्वप्न
एक वेळु एता
बाली पुनर्जन्मांत बेडु जाता
मृगयेवेळार तो बाणु सोडता
तें लागून हांव सोरनु 'श्रीकृष्ण' जाता.

अशि तशि काणी पुरति जाता
हावें आपडून फुलझाड फुल्लेता
तुगेली सावळी पडून फून्न झावनु पडना
आनी हे कीरालो जन्मु
काणी सांगून सोरनु वता.

□

सीतेलें स्वप्न

(1)

श्रीरामचन्द्रालि पत्नि जावनु
जनकालि धूव स्वप्न दिकता
तिका हासु पावता, ती नांचून भोंवता
तिका लज्जा पावता, ती निपून राबता

(2)

तीणे न्हावपाक बुडचे तळ्यांत
तो उदाक जावनु पडता
तिगेले पायाक धरता
        हाताक धरता
        अंगप्रत्यंग खाचकुली घालता
लज्जा पावनु बुडता
हासु पावनु राबता
उत्साहान ती जलक्रीडेंत निमग्न जाता
—केन्नाय ती न्हावचाक तळ्यांत पावता

(3)

तीणे भोंबचे उद्यानांत
तो वारे जावन पावता
तिगेली फांति धरता
फूल काडता
वर्लार धरता
वर्ल उबयता
तिगेले वोंटाक उम्मो दिता
हातार धरनु
तिका हस्तालिंगनांत निमग्न करता
लज्जा पावनु राबता
हासु पावनु धांवता
कामाभिलापान तो वारयांत राबता
—केन्नाय तो भोंवचाक उद्यानांत पावता.

(4)

तिका उळदीता
तो लागी वता
काणि सांगून, किरकिर सांगून
गींत म्हणु तांनी राबताय
तिका तो
ताका ती
तांका तांनी एक मनान राबताय.
ती फूल काडता
माळा गांतता

KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय
541

ताका घालता
चोवनु चोवनु राबचे सगट
दोळ्यां मुकार पावचे सगट
तिका श्रीरामचंन्द्र जाता.

(5)

शूरू, वीरू, गुणवंतु, आदर्शशीलु
आवसु-बापसूंक चांग पूतु
गुरूक उत्तम शिष्यु
भांवडांक चांग भावु
अस्त्र-आयुध विद्येंत अद्वितीयु
—तो स्वप्नांत मिगेलो घोवु.
कोण तो
कोण तो
कोण तो
माका रोमांचकंचुक दिवचो तो कोण ?

(6)

सीता साबाव स्वप्न दिकता
सुख सुन्दर जीवित स्वप्न दिकता
फाय तिगेले स्वप्न पोण वत्तलें
करपून वत्तलें
घर सोण
गांव सोण
रान्नांत वचूका जात्तलें
बापाक सोण

भावाक सोण
परगावांत वचूका जात्तलें
बापाक सोण
घोवाक सोण
पुत्तांक सोण
तिका वचूका जात्तलें
—सीता साबाव स्वप्न दिकता.

(7)

सीतेन स्वप्न दिकचे वेळार
श्रीरामचन्द्रु गांव गांवांत
ऋषिवर्यांले यागांक संरक्षण दीवनु भोंवता
—हें तिगेले स्वप्नांत ना.
तिगेले स्वप्नांत फूल, ताका कांटो
तिगेले स्वप्नांत उद्यान, ताका रान
तिगेले स्वप्नांत घर, ताका आश्रम
तिका तिगेले म्हणु, ताका वेगळचांले म्हणु
ताका बंधु ना, सगटय प्रजाच
ताका स्वार्थ ना, सगटय चांगपणाक
ताका स्वकार्य ना, सगटय सगटांकय
सीतेले मनांत श्रीरामचन्द्रु
श्रीरामचन्द्राले मनांत कोण ना.
सीता……
सीतेन दिकचे स्वप्नांतलें कांय ना.

□

हांव कुरवंता

सूत घालनु सीत जेवनु
हांव ब्रह्मचारि जाता—
"भिक्षाम् देहि" म्हणू सांगूनु
हात भरनु भिक्षा घेवनु
हांव ब्रह्मचारि जाता—
वाचून न्हय
आयकून न्हय
सिकून न्हय
कांय जाणा जावनु न्हय
मनांतुले, पोटांतुले, बुद्धीन्तुले
भूकेक भिक्षा घेवनु न्हय
दिकिल्ले सपनाचे साक्षात्कारा पसूनू
चिन्तन ना–मनांतु भूक ना
आवय बापूस खांवचाक हाडताय कशि म्हणु
चिन्तन ना–पोटांतु भूक ना—
पोणु मेळचें सग घेंवचे
रित्ते तट्टर बुद्धीक भूक ना

त्रिकाल संध्या करनु (कित्याक म्हणु कळना)
सुत्ताचें जानवे घालनु (जानवे कितें म्हणु कळना)
भोजन करनु (तें कितें म्हणु कळना)
हांव ब्राह्मणु म्हणु सांगूनु भोंवचे
गांवांतु समूहांत समूदायांतु
भरनु काळोख.
कांय जाण जांवका नाका माका
मनांतु उजवाडु नाका माका
एक पान सीत दियाय—
ग्रन्थ नाका माका
प्रभाषण नाका माका
हातु भरनु चोण्या उक्करी दी
तुमी बसून उलैयाय गा……
हांव कुरवंता
तुमी सांगाय गा
उलौनु, सरनु उट्टावनु वचे वेळारि
माका उळदाय गा……
हांव एक कुरवंता.

□

सुक्कें सीत

एक बायल आसली
तिका बांयतु घाली;
एक धूव आसली
तिकाय बांयतु घाली;
एकी एक नाति आसली
तिकाय बांयनु घाली;
आनी हांव कितें केलें ?
हांवय बांयत उडकी मारली.

मिगेले स्वप्न सगट करपून वचचे
ह्या गांवांत
मिगेलें दुःख सगट जड जांवचे
ह्या कालांत
हांव धावनु वचचें खंय ?
मिगेले प्रश्न सगट घुपसून वचचें
ह्या गांवांत
मनांतलो गाद्दो फकत उपाशि पडचें
ह्या कालांत
हांव परतून वचप खंय ?

ना; हें कांय ना
हांव कित्याक हें पातक केलें ?
माका आयकुंक एक चांग चिंतन ना;
माका म्हणूक एक शुभ शोभन ना;
माका दिकूक एक मनोरंजन ना;
माका लांवचाक दिवलेंत एक वाति ना.
ना: हें कांय ना;
हांव कित्याक हें पातक केलें ?

गिळळेलें सुक्कें सीत क्रांटे जावनु
ताळ्याक आसा;
बायल निमगीता—
माका मागल्यान कोण ?
ताळ्याक उदाक घालूक कोण ?
मरणार माल्लट्टींत उजो काडूक कोण ?

ना; हें कांय ना;
हांव कित्याक हें पातक केलें ?
माका मिगेले जिविता पसावत
ताप आसा दिकून;
माका मिगेले जिवितांतलो गोग
म्होंव जाता दिकून;
माका मिगेले जिवितांतली तान
ल्हान जाता दिकून.

□

एकलो असिल्लो

देवाक सरि मोलाक काडूक
एकलो असिल्लो
माळ पैं—
देवाक सरि राकून काडूक
एकलो असिल्लो
काळगप्रभु—
देवाक सरि सांगून राबयतल्लो
एकलो असिल्लो
देवरेशकिणि—
देवाक सरि धूवेक व्हरडीक करनु दित्तल्लो
एकलो असिल्लो
जनार्दन शेणै—
देवादयेन देवासरि
फारनु काडतल्लो
निपोवन व्हरतल्लो
चीरींतु काडतल्लो
मोंचुवारि व्हरतल्लो
मूळिका खोट्यांतु निपोवन घालतल्लो
देवाक सरि जीवित दित्तल्लो.
एकलोच एकलो असिल्लो—
तागेलें नांव—
तें देव सरि विसरलो
दुडू नातिल्ले जनांक देवसरि विसरता
जन सगट विसरताय—

□

सीता

सीता रडना !
आवसून तिका
जन्म घेतले तेन्ना
न्हयंत सोडली—

सीता रडना !
बापसून तिका
शिवचाप मोडलेल्याक
कोण चोवनातिल्लें
दिवंचाक निर्णय केल्लो—

सीता रडना !
आवस बापूस गुरू प्रजा
सगटांकय कान दिवंचें
बायलेलें बन कशें म्होण
सारि निमगूनातीलें
बामणाली बायल जाली—
सीता रडना !
बामूणूय पूतय जावनु
झगडताय चोवन

तोणे साबाव
राबूका जालें—

सीता रडना !
रावणाले अशोकवनांत
बामणाक सोडून
रातदीस मेजून
बेसूका जालें—

सीता रडना !
भांगरा प्रतिमेक
सीता म्होण करून
यागांत बेसयल्या
म्होण तिका आयकूका जालें—

सीता रडना !
हें सगट माथ्याबोरो म्होण
जीवितांत हें सगट भोगुका म्होण
तिका कळता देखून ?

सीता रडना !
कित्या म्हळ्यार
वाल्मीकीन तशें
वरयलेंना देखून !

□

382
541

गोमन्तक–90

(1)

मडगावांतुले परणे बस स्टांडामुकारी
आबु-रुका सावळेंतु
प्रायेन चुळकेल्ले तोंडय जावनु
एकि म्हांतारी आज्जी बसून आस्स–
वोंकोरू भरलेले दोयान
दूर थाकून एकेक बस
धावनु येंवचें दिकूनु
मन भरलेली आशाय
        राबौनु जन सगट देवनु
        रिति भांडि धावनु दूर वत्त चोवनु
        निराशाय घेवनु
भूताकय भावीकय मद्दें
फुटूनातिल्ली एकि सक्का दोरी सरि
म्हांतारी अज्जी बसल्या–

(2)

फातर पुंजावनु दवरूनु
        अपुरबायेन एक आपडल्यारी
        कोपान एक धिगुळ्ळ्यारी
        पोणु वच्चे वरी
फूडे केदनाय कि एक कालाक बन्दिल्ले–
        पागारान वांटिल्ले–

एकेक जागेंतूय
एकेक घरांतूय
पूतय
पुतण्याय धूवोय नातूरंय
पणस वीवनु ब्रिकंड किरलेवनु
तिळवो जावनु
बोरको जावनु
एकेक जागेचे कुटक्यांतूय
जन्म घेवनूय
जन्म दीवनूय
गुरभिणि जावनु वीवनूय
मरणांतूय
तुंटून वचनातीलें आतंय आस्स
ती—

(3)

टावरिनांतु
ल्हान उजवाडांतु
मोवाळ ताळ्यारि
कोण एकलो म्हणता—
कॉकटेयिलांतु
लहरी फेणेयता—
ड्रम वांडारि थाकूनु ह्ोळ्ळो शब्द येता
मागीरी होड ताळ्यारि बोवाळ.
गोवंटेरि
खुर्सी माळा घालनु

एकु पिशाचो
टावरिनांतु
ल्होवूच चोणु येता
सोरो
बॉटल सयत पीवनु सारेता
बॉटल विंदून पेल्यान घालता
मागीरी,
दिंबियेरि बसूनु
खाणा मेशेचेरि पोल्लो दवरून
कुंसार सांगता—
"हावें केल्लेले कोरनु सारलेले
सगट चूकेंकय
माफ दी माका
मेगेले बाप
चूकि एकेक
हांव सांगतां
दी माका
माफ—"

(4)

फूल एकेक पोणु वत्ता
रूक झाड मागीरीय फुलता
    फुलता मोगरें
    फुलता करवोर
    फुलता शेमतें
    फुलता फुलता—मेगेलें गोंय

जनन मर्णाक मद्दे
सान सेतु जावनु कालु पडला–
तोंडारि चुळकेतु
बालचापल्य
यौवनांतुलि तान
फुलचे पिरथम पोणु गेल्लेलीं स्वप्न
गीमु
दोव भरलेलें सकाळीं
पावसु–की
पावसा सावळी की
सखी, एक मेळपाक
आडखळ आशिल्लें
तुगेलें मन वे
तुका चूकेन दिसल्ली मान वे
गोवंटेवेलो खुरिश वे
दोळ्यांतुलो काम वे
आंगावेली मिटसाणी वे
सुस्काराची हुनसाणी वे
चेल्ले
तुका घुपसायलेली
        वोडिल्ली ?
चुळको विस्कळावनु
सण्ण तुगेले पोल्यारी
एक उम्मो दिवचाक
खळी आनी बाकी आसतलिवे !

(5)

म्हांतारे आज्जे
कित्या हांगा बसल्या ?
येताय रे पूत
येताय रे भावंडां
येताय रे अवसबापूस
येताय आनी मेगेले मुकावेले पिळगे—
तान्नी धावनु गेल्लेले वाटेरी
विकोरनु पोणु गेल्लेले
बीयां थाकूनु जालेले मेळ्ळेले
भात्ताचे दाणेंय
समृद्धीय घेवनु
येतलीं तान्नी
सगट माका दींवका जाल्लेंली
माका दिवंची—
धावनु धावनु धावनु वच्चे वेळारि
मगलान चोवनु मीठाफातोर जालेली
"सारा" हांव
गोवंटेरि "बेतीन" घालनु
बल्लाव जावनु भायर पळ्ळेला
हांव—

(6)

भुंयची ल्हानपण दिकून फिरंग्यानी
उपदंशु वोयलेली
श्याम भूमि हांव

सगट सहन करनु
सहज दु:खान
जड:शरीरय
आनीकय जीर्णित जावनातिल्लें
विषान वायट जावनातिल्लें मनय घेवनु
रांटूनातिल्लो आत्मा जावनु
सत्य जावनु
साधारण जावनु
शिव जावनु
साक्षी
म्हांतारी आज्जी बसल्या—

(7)

"फादर—हावें एकि चूकि केल्ली—"
"सांग धुवे—"
"हांव देवळांतु गेल्ली—"
"तें कशि चूकि जातली धुवे ?
"हांव गेल्लेली हिन्दु देवाळांतु तं—"
"होड न्हय धुवे—"
"हांवें हात भरीच सूके बोग्व
        दान दिल्ले फादर—"
"तें तुगेलें पैतृक तं—"
"राती रामनाथींतुलो शिव
        मैगेले लागि येवनु
        हासून राबता म्होण
        हांव स्वप्न दिकता फादर—"

"येशूक प्रार्थना करनु
निर्देवचाक पड धूवे—"
"फादर-हावें येशु म्होणचे वेळारि
रामनाथींतुलो देवु उल्लो आयकता—"
"तुगेले गोवंटेवेले खुर्साक धरनु
प्रार्थना करि धूवे—"
"फादर—थांगा हांव हारवता—
गोवंटेरि खुर्सामाळा आशिल्लो तं
मेगेले स्वप्नांतु येंवचो देवु—
तो माका चोवनु—एकेक पावटीय
खुसांर उभ्मो दिता
रामनाथींतुलो शिव"
"जल्यारि धूवे
तूवें दिकूचो शिव आमगेलोच तं—"

(४)

एक कालाक एकु रायु मेल्लो
तावळि एकु रायु जन्मलो
गोमंतकांतु राय मात्र बदलले
महाजन, रेणुकेले पूत
म्हांतारे आज्जेले गोवांतुले आंकुर
हिन्दु जावनु
मोयर जावनु
क्रिस्तांव जावनु
पैतृकांतुले सांखाळेचे

एकेक कुटके जावनु
आतांय आसात.

(9)

खुरिस दिकूनु
भीवनु धावलेले
गोमंतकाचे भायर
भारत खण्डांत भरनु सिवंडले—
पविल्लेकडे
रायां लागीय जनां लागीय
सहकार दीवनुय
एकमेळनूय
तांगेलि भासय संस्कारूय
राकून राकून काणु
आतंय जीवित काडताय—
खुर्सा लागि युद्ध केलेलीं
हारवून.
गुलाम जावनु
काम करनु
कष्ट भोगून
क्षीणित जावनु
अवश जावनु
समुद्राचे पेळतडी
रानांतु विन्दूनु पोणु
रानफल खावनूय
व्हाळा उदक झायतें पीवनूय

एक वेळारी स्वप्नांतु येवंचे
आशेचे मालेखेलागि
कोंकणी सांगूनूय
आजीय
नांवय
मूळय
गोत्रय कुळागरय
गांवूय घरय
नष्ट जावनु
जीवित काडताय—

(10)

नेणतांशेय
जाण जावनूय
बोध-अबोधांतु
गोवंटेरि पळ्ळेली
खुर्सा माळा काडून दूर विन्दूक
जावनातीलें
हारवूनु
आतंय जीवित काडताय—
तांगेले घराकडे
अलंकाराचे आलमारेंतु
शिवलिंग आमी दिकताय
तांगेले नांवाक शेंपडी जावनु
पैतृक लांबून पडता

ताऩ्नी सदा कोंकणी सांगताय
परणे पुराण सगट चिकूणु भोंवताय
ताऩ्नी
तांगेले
दंदकाराक
"शंकर" म्होण उल्लो दिताय—
तशि रेणुकेले पूत नातूर
जीवित काडताय
पोवंताय, बुडताय
नष्ट जालेलें सगट
पोरतूनु मेळतलें म्होण लेकूनु
नष्ट जालेलें सगट
पोरतूनु येतलें म्होण लेकूनु
देवभूमींतु सदा सौहृद
राबतलें म्होण लेकूनु
ताऩ्नी जीवीत भोगताय—

(11)

रानांतु
कोणे नेणताणा
कोणे चडनातिल्ले एकडे
मर्णाचि वाणि
नाक धांपूनु
लागि वोचूनु चोवंचे वेळारि
एक जीर्ण मोडें.

पाय दोनीय विस्कळावनु पडल्या—
पिंजल्ले चोळिये भित्तरि
घाय पळ्ळेलीं स्तनां
घाणि नांकाचे
सांकोव मोडता
कुसल्लें मोडें.
पत्रिकेरी ही वार्ता
येना–येंवचिना—
सभाध्यक्षाले स्वकार्य कूडांतु
एक स्टेनोले
होंट कातरलेले शेष
फेणेवनु उंचारि येवंचेकडे
साबाषीं—
स्वतंत्र स्त्री विमोचन प्रस्थानाचीं
साबाषीं—
रस्तेचेरी
होंटांर तांबिडसाणि लावनु
एकेक रातीकय
एकेक देवाक सोदूनु भोवंचे
"येल्लम्माले" अवतारांकय
साबाषीं—
शंबर जनानि
मगलान
मगलान पोरतुनु
भोगलेले क्षोणान
पूरो जावनु

घूंवळि येवनु
जीवाचे अंतारि
एक तोंड भरनु
श्वासु गीळूक
चेल्ली त्रास काडचे हे वेळारि—
सांग,
संजया सांग
पांत्रालीक कितें जालें म्होण न्हय
मेगेलें पूत नातूर
कितले
शूर वीर म्होण
विवरणान सांग रे संजया—

(12)

एक दोनि चक्राचे टाक्सीरी
चेल्ली
ड्रायवराले खांद्यारि पोणु वत्ता
सोडून वचे वेळारि
वेगळो एकलो "टा टा" सांगूनु
हासूनु लोकूनु
एकु पायु मुकारि चोंवकूक दवरनु
मागीरि कांय नेण सरि
परतूनु वत्ता—
ती ड्रायवराले खांद्यारी
एक लगेन थापूनु

तोंड भरी फलित सांगून
हासता—

(13)

युद्धांतु कोणे जयु पावनातीलें
युद्ध मुकारि वच्चे वेळारि
अरधंगुटें राबौनु
आमकां आनी एकमेळेन
हे गांवकारांक
हारवोवनु खेळया म्होण तं
गोमंतक पुराण.
एक पक्षांतु रावूनु
जिखवल्ले थोकडे
हारवल्ले पक्षांतु सरनु
आमकां आनी
हे गांवकारांकय
गात्रांचे सिंहासन स्वप्न दिकुच्यांकय
हारवोवनु खेळया म्होण तं
गोमंतक पुराण.

(14)

एक सांकोव मोळळोलो
शाप
सरचे भितरी
मागीरीय
सांकोव मोणु पडता
जन

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 000362

आळतडी पेळतडी राबूनू
रडताय
हृदयांतु घायु पोणु
दूकी कॅनसर जावनु
भरता
मंडोवी हें कांय नेणतणा
होळता—
व्हडें ताणचे चेल्लेचे
पोल्यारी एक उम्मेचें सुख भरता
पाळारि पोंवचे मोचुवाचे
पोटांतु एकी बी
मनांतु एक नक्षत्र—
जंबुळारूखाचे खांद्यारि बांदिल्ले
व्हिदळया दोराचें रण्णें
सांजे वेळारि
नाका जाल्लेलें खावनु
वोंकारो येवनु वोंकी—
जन्म मर्णा मद्दें
एक सान पुल.

(15)

आवय, समझ
मनांतु करि—
पिलां आमी आळतांपेळतांतु
मर्ण घालनु मरताय

पिलां आमी चेडीपणान
कुल राकून काडताय
पिलां आमी
बाटूनु जानवरां जाताय
आवय
मनांतु करि—
पिळगे आमी
तुजे दोळयां मुकारि
मूय जावनु
लेंबो जावनु
गायंडोळु जावनु
कीडी जावनु
आसय.

आवस—
मनांतु धरि
तुगेले भरलेले उडगासांतु
दोळ्यकांतु कोयरू आमी
खोंबुच्यो काळखाचो सूवो आमी—

(16)

येयाय पिळग्यानू
येयाय पिळग्यानू
तुंटूक वच्चे सांखाळेचि
मुट्टी फुटूचे फूडे
तुमी

मेगेले दोळयांतु
उजवाडाचीं बीं जायाय—
कुलागर राकूचीं जायाय
तुमी
मेगेले पूत जायाय
मेगेलीं नातूरां जायाय
पूत पुतणी
पील पिळगे जावनु
रूख जावनु.
खांदे जावनु
गोमंतक भराय.

□

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय
541

G

WORLD KONKANI CENTRE,
SHAKTHINAGAR, MANGALORE

TITLE : पी. इन. शिवानन्द
शेणॉय्चीं कविता
changapanachi santh

WORLD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

Acc. No. ____________

1. Books lost, torn, defaced, marked or damaged in any way shall have to be replaced by the borrower.
2. Books issued can be recalled at any time, if necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK
FRESH & CLEAN

Sri P. N. SIVANANDA SHENOI (B-1951 at Kottayam, Kerala) is the modernist amongst the Konkani poets of Kerala. He is the recipient of the "Pandarinath Award" of 1986. "SUNAPARANT" the Goan daily elected him the poet of the month for July 1993 and published extracts from his long lyrical poem "GOMANTAK-90"

He stormed the Konkani poetic scene of Kerala in 1984 with his poetry collection "KIRKIR" full of down to earth, factual picturisations of the state of life of the Konkanis of Kerala. This is his second anthology. His poetry is a prism through which myriad facets and patterns of life are picturesquely flashed into the mind of the reader.

केरळ कोंकणी अकादमी
कोची
ISBN-81-85367-24-8